# म्हापशें सेंट झेवियर्स म्हाविद्यालयांत : "म्हजे नदरेंतल्यान" कार्यावळ दबाज्यान

■ भांगरभूंय | खबरां मेज

म्हापशें : साहित्य अकादेमी, बार्देस कोंकणी अस्मिताय केंद्र आनी सेंट झेवियर्स म्हाविद्यालय हांच्या जोड पालवान "म्हजे नदरेंतल्यान"ही कार्यावळ बिरेस्तारा, 24 जुलय 2025 सेंट झेवियर्सच्या सभाघरांत जाली. हे कार्यावळीक नामनेची कोंकणी कवयित्री नूतन साखरदांडे ही मुखेल सोयरी ह्या नात्यान उपस्थीत आसली तशेंच भाशा सल्लागार समितीचे वांगडी शशिकांत पुनाजी, बार्देस कोंकणी अस्मिताय केंद्राचे अध्यक्ष प्रवीणा थळी, संयोजिका कुसूम अगरवाल, वांगडी काश्मिरी पावसकार, सोनाली चोडणकार , आनी म्हाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागाचे मुखेली धर्मा चोडणकार आनी विद्यार्थी हाजीर आसले .

कोंकणी कथेंत आपली खाशेली सुवात स्थापान करपी गोंयची नामनेची साहित्तीक मीना काकोडकार हिणें फाटलीं 40-45 वर्सां कोंकणी साहित्यांत आपलें व्हड योगदान दिलां. कथा, ललीत, काव्य, बाल साहित्य, कादंबरी, अशा साहित्य मळाचेर तिणें आपली छाप दवरली. मीना काकोडकार गोंयांतल्या केंद्रीय साहित्य अकादेमिचो पुरस्कार फावो जाल्ली पयली कथा लेखिका. आतां मेरेन तिचे दोंगर चवल्लां, सपन फुलां हे कथा संग्रह, शब्दसूर हो ललीत संग्रह आनी वास्तू ही कादंबरी उजवाडाक आयल्या. मीना काकोडकार मनांत सदांच एक भुरगें वावुरतालें देखून तांकां बाल साहित्य बरोवपाकखूब प्रभावीपणान जमतालें.

काण्यो आयकून - आयकून एक वेगळेंच विश्व तांच्या मनांत तयार जावंक लागतालें आनी आयकल्ल्या काण्येची फास्टी मोडून मीना बाय आपल्यो काण्यो घडोवपाक लागले. अशें नूतन साखरदांडे हिणें मीना काकोडकार हांची जीण आनी साहित्याच्येर उलयतना विद्यार्थ्यांक सांगलें. सोनाली चोडणकार हिणें येवकार दिलो. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन कुसूम अगरवाल हिणें केलें जाल्यार अंकिता जांबावलिकार हिणें उपकार मानले.